**म्हायती हक्क हो एक क्रांतिकारी कायदो आसा- राज्यपाल**

**ता. 12 ऑक्टोबर 2022**

म्हायती हक्क हो एक क्रांतिकारी कायदो आसून हो कायदो मूलभूत अधिकारासारखो आसा. खंयचोय कायदो वा धोरणाची भावना ही लोकांमदल्या यशाचेर निंबून आसता आनी त्या खातीर लोकांक म्हत्त्वाच्या कायद्यांविशीं शिक्षीत करपाची गरज आसा, अशें गोंयचे राज्यपाल श्री पी एस श्रीधरन पिल्लई हांणी सांगलें.

राज्यपाल आयज दोनापावला हांगा इंटरनॅशनल सेंटरात म्हायती अधिकार दिसानिमतान खातें प्रमुखांखातीर 'आरटीआय कायदो- 2005 अंतर्गत भौशीक अधिकारीणीची भूमिका' ह्या विशयाचेर आयोजीत एका दिसाच्या परिशदेच्या उक्तावण कार्यक्रमात उलयताले. गोंय राज्य म्हायती आयोग आनी गोंय लोकप्रशासन आनी ग्रामीण उदरगत संस्था (GIPARD) हांणी ह्या परिशदेचे आयोजन केल्ले.

फुडें उलयताना राज्यपालांन सामान्य लोकांचेर विश्वास दवरपाचे आवाहन करून लोकशाय वेवस्थेत जनता सर्वोच्च आशिल्ल्याचे म्हणलें. भौशीक म्हायती अधिकारी हे आरटीआय कायद्याचे रक्षक आसून तांणी लोकांच्या अपेक्षांकडेन लक्ष दिवपाची गरज आसा, अशें म्हणलें.

संबंदीतांनी सर्वोच्च न्यायालय आनी उच्च न्यायालयांच्या निकालांचो अभ्यास करपाक जाय, अशें निकाल खुप वेळा देशाच्या कायद्याप्रमाण बंधनकारक आसतात. प्रत्येक लोक सेवकान कायद्याच्या कक्षेत रानपाक जाय. अशें मत राज्यपालांन व्यक्त केले. गोंयचे राजभवन हे लोकाभिमुख आसतले, अशेंय तांणी सांगलें. काय वेळा लोक सुडभावनेन दावे करतात पुण अशां प्रकरणांच्या बाबतीत लोकांक न्याय दिवपाक जाय, अशें तांणी म्हणलें.

राज्याचे मुख्य म्हायती आयुक्त श्री विश्वास सतरकर हांणी प्रकरणां निकालात काडटना येवपी अडचणी आनी यशस्वी निकालांची म्हायती दितना पारदर्शकता आनी उत्तरदायित्व हे लोकशाय वेवस्थेचे मूलभूत वैशिष्ट्य आशिल्ल्याचे सांगलें आनी अशां वैशिष्ट्यांक प्रोत्साहन दिवप

हे आरटीआयचे उद्‌दिष्ट आशिल्ल्याचे म्हणलें.

मुख्य सचिव आनी GIPARD चे अध्यक्ष श्री पुनीत कुमार गोयल हांणी प्रधानमंत्र्यांनी नागरी सेवा प्रशासनाची तांक वाडोवपाखातीर सुरू केल्ल्या मिशन कर्मयोगी विशीं म्हायती दिली.

ह्या वेळार उपस्थितांमदी होते GIPARD चे सरसंचालक डॉ. व्ही. कांडवेलू, म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक श्री दीपक बांदेकर; , GIPARD च्यो सहाय्यक संचालक श्रीमती सीमा फर्नांडिस, म्हायती आयोगाचे सचिव श्री भूषण सावईकर हांचो आस्पाव आशिल्लो

रिसोर्स पर्सन महाराष्ट्र सरकारचे आदले अतिरिक्त जिल्हाधिकारी श्री प्रल्हाद कोचरे हांणी म्हायती अधिकार कायदो- 2005 आनी भौशीक अधिकारीणीच्या भूमिकेचेर उलवप केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/636

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji